**Panaji Regional 6th April 2025 Regional 7.25am**

**Rajesh health**

**भलायकेचें म्हत्व पटोवन दितना प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हयांनी दिल्लो मंत्र पुराय करपाचो गोंय राज्याचो यत्न चालू आसा अशी म्हायती भलायकी मंत्री विश्वजीत राणें हाणी दिली.**

**वास्कोचे आमदार दाजी साळकार आनी गोंय वैजकी म्हाविद्यालय हांच्या जोड पालवान वास्को काल घडोवन हाडिल्ल्या वैजकी शिबिराचें उक्तावण केल्या उपरान्त उलयताना मंत्री राणे हाणे म्हळा, की आता मेरेन चडान चड वैजकी सेवा लोकां मेरेन पावोवपाचो यत्न सरकारान केला . मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचेकडेन आपणें आनिक शंभर एम्बुलंसी मागल्यात. तांतुतल्यो १० ते १२ एम्बुलंसी हयो फकत आताकाच्या दुर्येंती खातीर आसतल्यो. तशेंच दर्या देगे लागसार एम्बुलंस सेवा उपलब्ध करून दिवपाचो निर्णय घेतिल्लो आसा. वैजकी सेवा ही प्रत्येक गोंयकाराच्या घरामेरेन पावोवप होच ही शिबिरां घडोवन हाडपा फाटलो उद्देश आसा अशें ताणि म्हळा. हयावेळार आमदार दाजी साळकार हाणी आपल्या खर्चातल्यान दिल्ल्या नव्या एम्बुलेंसीचें उक्तावण राणें हांचे हस्तुकी जाले. हयावेळार आमदार दाजी साळकार, नगराध्यक्ष गिरीश बोरकार, गोंय वैजकी म्हविद्यालयाचे डॉ. शिवानंद बांदेकार आनी हेर सरकारी अधिकारी हाजीर आशिल्ले.**

---

**Tarwati**

**दर्यात तारवार काम करपी तारवट्यांखातीर केंद्र सरकारान कल्याणकारी येवजण्यो सुरु करच्यो अशी मागणी काल गोवा सीमॅन असोसिएशन आॅफ इंडिया या संस्थेन केल्या.**

**या संघटनेवतीन काल राष्ट्रीय तारवटी दीस मनयलो. हयावेळार पत्रकारांकडेन उलयताना हया संघटनेचे अध्यक्ष फ्रॅंक व्हिएगस हयांनी केंद्र सरकारान तारवट्यांखातीर तारवटी कल्याण निधी सोसायटीची स्थापणूक करची अशी मागणी**

केली. निवृत्त आनी दुबळ्या तारवट्यांक ह्या वरवी लाव दिवंचाे अशी मागणी करपी पत्र केंद्रीय बंदर, जहाज आनी उदकामार्ग मंत्री सरबानंद सोनोवाल हांकां धाडला अशें तांणी सांगलें. तारवट्यांच्या विधवाक मेळपी पेन्शन अडेज हजार मेरेन वाडोवचे. तारवार काम करताना खंयच्या तारवट्यांक मरण आयल्यार ताकतिकेची मदत म्हूण ताच्या कुटुंबाक दोन लाख रुपयांची मदत दिवची तसेच खंयचोय तारवटी बेपत्ता जालो किंवा खंयय ताका ओलीस दवरलो जाल्यार तो सुट मेरेन ताच्या कुटुंबाक दर म्हयन्याक धा हजार रुपये मेळपाची तजवीज करची अशी मागणी फ्रॅंक व्हिएगस हांणी केली.

------------------------------------------

Result ganesh

गोंय शालांत मंडळान घेतिल्ले धावेचे परिक्षेचो निकाल सोमारा, 7 एप्रिलाक सांजेच्या 5 वरांचेर जाहीर जातलो. निकाल, मंडळाचे अधिकृत संकेतथळार अपलोड करतले.

गोंय शालांत मंडळान राज्यांत 1 मार्च 2025 ते 21 मार्च 2025 मेरेन धावेची परिक्षा घेतिल्ली. अंदूू अठरा हजार आठशे आठतीस विद्यार्थी परिक्षेक बशिल्ले. तातुंतल 9280 चलयो आनी नव हजार पंचशे अठावंन चले आशिल्ले.

------------------------------------------

Waves

माहिती आणि प्रसारण मंत्रालयाच्या सहकार्यान, मीडिया एंटरटेनमेंट असोसिएशन ऑफ इंडिया, तरणाटे कलाकार आणि मीडिया व्यावसायिकां खातीर WAM (WAVES Anime & Manga Contest) आयोजित करता, जाचो उद्देश निर्मात्यांखातीर अर्थव्यवस्था वाढवप हो आसा. तळागाळांतल्या पांवड्यार प्रतिभा सोदप, ताची उदरगत करप, आनी ह्या कलाकारां खातीर वेवसायीक मुळावी बांदावळ तयार करप हें हे सर्तीचें ध्येय आसा. ही सर्त भारतभर वेगवेगळ्या शारांनी जाता. चेन्नय हांगा हे खेपे सर्त आयोजीत केल्ली.

गोय वेधशाळेनं उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चदन चड तापमान ३५ डिग्रीस celsius जाल्यार उण्यात उणे तापमान २६ डिग्रीस celsius आसतले.

हवामान खात्यान कोंकण आनी गोंयच्या काय सुवातींनी कालोर जावपाचो  आनी दमट हवामानाचोय अदमास उक्त्याला.

-------------------------------------------

IPL

आयपीएल टी-20 क्रिकेटांत काल रातीं चंडीगढांतल्या महाराजा यादविंद्र सिंग आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमांत जाल्ल्या खेळांत राजस्थान रॉयल्सान पंजाब किंग्साक 50 धांवड्यांनी हारयलो. पयली बॅटींग करतना राजस्थानान निर्धारित 20 ओव्हरींनी 4 विकेटी व्हगडावन वट्ट 205 धांवड्यो केल्यो. राजस्थाना खातीर यशस्वी जायसवालांन  45 बॉलांनी 67 धांवड्यो केल्यो. पंजाबा खातीर लॉकी फर्ग्युसनान दोन विकेटी घेतल्यो. ताका जाप दितना पंजाब किंग्साक 20 ओव्हरींनी 9 विकेटी व्हगडावन 155 धांवड्यो करप शक्य जाल्यो.

काल आदीं जाल्ले आनीक एका मॅचींत दिल्ली कॅपिटल्सान चेन्नयच्या एम.ए.चिदंबरम स्टेडियमांत  चेन्नय सुपर किंग्साक 25 धांवड्यांनी हारयलो. 184 धांवड्यांच्या लक्ष्याचो फाटलाव करतना  चेन्नय सुपर किंग्साक निर्धारित  20 ओव्हरींनी 5 विकेटी व्हगडावन 158 धांवड्यो करपाक येस मेळे.  ताचे आदीं पयली फलंदाजी करपाचो पर्याय घेवन दिल्ली कॅपिटल्सान  निर्धारीत 20 ओव्हरींनी 6 विकेटी व्हगडावन 183 धांवड्यो केल्यो.

-------------------------------------------